Akashvani Panaji

Regional News

18th jan 2025 7.20 pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आसामांतल्या नागांव जिल्हयांतल्या कालियाबोर हांगा स हजार 950 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या काजीरंगा एलिव्हेटेड कॉरिडोर प्रकल्पाचो बुन्याद घालो.८६ किलोमीटर लांबायेचो काझीरंगा एलिव्हेटेड कॉरिडोर प्रकल्प हो पर्यावरणाची जाणविकाय आशिल्लो राष्ट्रीय म्हामार्ग प्रकल्प.तातूंत 35 किलोमीटर उंचायेचो वन्यजीव मार्ग आसतलो जो काझीरंगा राश्ट्रीय उद्यानांतल्यान वचतलो. उद्यानाच्या गिरेस्त जैवविविधतेची राखण सुनिश्चीत करतना प्रादेशिक जोडणी सुदारपाचो हया प्रकल्पाचो हेत आसा.हो प्रकल्प नागांव, कार्बी आंगलोंग आनी गोलाघाट जिल्हयांतल्यान वचतलो आनी वयल्या आसाम, कालियाबोरांत उदरगतीच्या कामांचो उक्तावण सुवाळ्यांत उलयतना मोदी हांणी म्हणलें, काझीरंगा फकत राष्ट्रीय उद्यान न्हय तर आसामाचो जीव.युनेस्कोन काझीरंगाक संवसारीक दायज स्थळ म्हूण मान्यताय दिल्या अशें तांणी सांगलें. फाटल्या वर्सांनी काझीरंगांतल्या पर्यटकांचो आंकडो स्थिरपणान वाडत आसा अशें श्री मोदी हांणी उक्तायलें.byte काझीरंगा आनी ताच्या रानवटी जनावरांची राखण करप म्हणल्यार फकत पर्यावरण संवर्धन न्हय, तर आसामाच्या फुडारा कडेन आनी फुडल्या पिळग्यां कडेनय जापसालदारकी अशें तांणी सांगलें.आसामांतलें भाजपा सरकार घुसखोरीचेर मात करता, रानां सांबाळटा, धर्मीक, सांस्कृतीक आनी इतिहासीक थळांची राखण करता, अतिक्रमणापसून मुक्त करपाची पद्दत प्रधानमंत्र्यान आसामांतल्या नागांव जिल्हयांतल्या कालियाबोर हांगा दोन नव्या अमृत भारत एक्सप्रेस गाडयांनी ध्वज दिलो. कामाख्या-रोहतक अमृत भारत एक्सप्रेस आनी डिब्रूगढ-लखनौ (गोमती नगर) अमृत भारत एक्सप्रेस हयो गाडयो आसात. Byte

Rashmi

फुडल्या अर्थीक वर्सा सावन वर्सुकी आशादी आनी कार्तिकी एकादशी यात्रेक हातांत घेवपी पंढरपूर वारकारींक सुलभ आदार दिवपाचें धोरण गोंय सरकार तयार करतलें अशी म्हायती विधानसभेक हालींच सोंपिल्ल्या शिंयाळ्या अधिवेशनांत दिली.मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट हांणी मांडल्ल्या तारांकीत प्रस्नाक जाप दितना कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हांणी म्हणला की पंढररपूर वारींत वांटो घेवपी भक्तां खातीर कला आनी संस्कृती खात्यान राज्यांतल्या वेगवेगळ्या वारकारी गटांच्या प्रतिनिधीं कडेन प्राथमीक चर्चा केल्या.हया भासाभासांचेर आदारून फुडल्या अर्थीक वर्सा सांवन ती येवजण सुरू करपाचो प्रस्ताव सरकार

मांडटा अशी लेखी जाप मंत्री तवडकार हांणी दील्या.गोंयचे वारकारी दर वर्सा पंढरपूराक वतात हें सरकारान मान्य केलें.गोंयांतले वारकारी दर वर्सा स्वताच्या खर्चान पांयी पंढरपूराक वतात. तांका रावप, जेवण, वैजकी पुरवण, सामान आनी आयदनां व्हरपा खातीर खर्च येता.प्रस्तावीत येवजणेंत वारकारी गटांची नोंदणी आनी मान्यताय आनी मुळावी सुविधा दिवपी मजत दिवपाचेर भर दितले अशें मंत्री हांणी सांगलें.ह्या मजतींत पयली मदत किट, पारंपारीक झांझ (ताळ), पावसाचे कपडे, आनी कदंब येरादारी म्हामंडळाच्या बशींतल्यान पंढरपूर सावन गोंय मेरेन परत येवपा खातीर येरादारी आसपाची शक्यताय आसा अशें जापेत म्हणलां.तशेंच सरकारान पंढरपूर वारीचें सांस्कृतीक आनी आध्यात्मिक म्हत्व पळयत जाल्यार आनी तरणाट्या पिळगेक ह्या वारीत वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपा सयत संघटीत सहभागाक आदार दिवपाचो हे येवजणेचो हेतू आसा अशें मंत्र्यान म्हळा. गोंयांतले सुमार 40 ते 45 वारकारी पंगड दर वर्सा पंढरपुराक .वारकारी गटांची नोंदणी करपाची प्रक्रिया थोड्याच वेळान सुरू जातली, उपरांत नोंदणीकृत आनी प्रलंबीत आशिल्ल्या गटांचो अचूक तपशील मेळटलो अशें मंत्री हांणी ह्या अतारांकीत प्रस्नाच्या जापेत म्हणला.

Sushant 237

गोय सरकारच्या माहिती खात्यान घडवन हाडील्ल्या तिसऱ्या बुलबुल आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवात कॅनडियन भाशेंतल्या नेव्हॉन ड्रीमिंग ह्या चित्रपटाक भांगरा करंड फावो जालो.लघुपट विभागांत डॅनीश भाशेंतल्या द थिफ ह्या लघुपटाक सगळ्यांत बरो पुरस्कार फावो जालो. दुपकी ह्या भारतीय चित्रपटाची खासा पुरस्कारा खातीर निवड जाली. जाल्यार बर्ड्स ऑफ अ डिफरेंट फेदर ह्या सिनेमांत भूमिका करपी जयश्री हिका उत्कृश्ट बाल कलाकार म्हणून पुरस्कार फावो जालो.या महोत्सवाचो समारोप सुवाळो काल राती उसरा मडगावच्या रवींद्र भवनात मुखेल मंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे उपस्थितीत जालो. भुरगीं आनी तरणाट्यांचो फुडार घडोवपाच्या हेतान बुलबुल बाल चित्रपट महोत्सव घडोवन हाडटात. ह्या महोत्सवाक लागून भुरग्यांच्या सृजनशीलतेक आनी प्रतिभेक व्याप्ती मेळटली अशें मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी स्पश्ट केलें.राज्याच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान ह्या महोत्सवाक तेंको दिलो.नव्या शिक्षणीक धोरणांत भुरग्यांच्या सृजनशीलताय आनी कलागुणांक प्रोत्साहन दिवपाचेर भर दिला अशें ते नदरेन हो उत्सव म्हत्वाचो असे मुखेल मंत्री सावंत हाणी म्हळे. गोंय ही देशांतली सृजनशीलतेची

राजधानी करपा खातीर सरकार वावुरता. गोंय स्वावलंबीत करपा वांगडाच राज्याचो सुख निर्देशांक वाडोवपाचो यत्न सरकार करता अशें तांणी सांगलें.हो महोत्सव देशांतल्या पयल्या क्रमांकाचेर पावचो अशें भौशीक बांदकाम मंत्री दिगंबर कामत हांणी सांगलें.म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक दीपक बांडेकार हांणी सगळ्यांक येवकार दिलो, जाल्यार अधिकारी शांतो नायक हांणी उपकार मानपाचो प्रस्ताव मांडलो. समारोप सुवाळ्यांत नाच आनी गायन कार्यावळी जाल्यो.अनुपम खेर हाच्या तनवी द ग्रेट ह्या हिंदी फिल्मान महोत्सवाचो शेवट जालो.ह्या महोत्सवांत ३८ देशांतले ७० परस चड चित्रपट प्रदर्शीत जाले. अंदूं गोंयांतल्या 110 ते 115 शाळांतले विद्यार्थी तशेंच पालक आनी शिक्षक सयत सुमार 50 हजार लोक हाजीर रावले.

Desk 65

द फोरम ऑफ बिझनेस बाय ब्राह्मण ट्रस्ट पणजी विभागातर्फे संस्थेच्या तिसऱ्या वर्धापनदिनानिमित्त, इंडियन रेड क्रॉस सोसायटी आनी गोय  वैजकीय महाविद्यालय, सहकायनि बुधवार, २१ जानेवारी  रक्तदान आनी  आरोग्य तपासणी शिबिराचे आयोजन करतले .हे शिबिर रेड क्रॉस सोसायटी हॉल, १८ जून रोड, पणजी हांगा  सकाळी ९ ते दनपर  १२ वरा  पर्यंत आसतले . या शिबिरात नागरिकांनी सहभागी जाउन आपल्या भालयकेचे  उपचार आनी मार्गदर्शन घेवचें अशे आयोजकांनी मागला

Desk 82

बोरी डेव्हल्पमेंट ट्रस्ट वतीं  'बोरी उत्सव २०२६' आयतारा  ८ फेब्रुवारी सकाळी . ४ वरांचेर श्री नवदुर्गा देवळाच्या  मंडपात सादर जातलो .ह्या वेळार  'लक्ष्मीदास बोरकर स्मृती २०२६ पत्रकार पुरस्कार ' धर्मानंद कामत हांका फाव जातले  , 'डॉ. रमेश बोरकर स्मृती धन्वंतरी पुरस्कार २०२६' डॉ. प्रकाश कुराडे हांका फाव जातले  तशेंच  'कविवर्य बा.भ. बोरकर स्मृती २०२६ पुरस्कार' अरुण साखरदांडे हांका फाव जातले , 'रुक्मिणीबाई बाळकृष्ण बोरकर स्मृती समाजसेवा पुरस्कार २०२६लोकविश्वस प्रतिष्ठानचे अनुप प्रियोळकरहांका  जाल्यार  'पं. तुळशीदास बोरकर स्मृती पुरस्कार' पं. शरद मठकर हांका भेटयतले

Ganesh 94

क्रिकेट स्टेडियमा खातीर धारगळचोच जागो जीसीएक लीजाचेर दिला, अशें खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी स्पश्ट केला. वन मावळींगे हांगा स्टेडियम उबारपाचो प्रस्ताव सरकाराक पावोंक ना, अशेंय तांणी सांगलां. वन - मावळींगे हांगा गोंय क्रिकेट

संघटनेची जमीन आसा. हांगा संवसारीक पावंड्यावेले क्रिकेट स्टेडियम उबारपाचो प्रस्ताव आसपाचो आनी स्टेडियम उबारपाविशीची स्थितीची जाणविकायेचेर लेखी प्रस्न आमदार प्रेमेंद शेट हांणी विचारिल्लो. हाचेर खेळामंत्र्यांनी जाप दिल्या.धारगळी हांगा सरकारान 9 लाख 19 हजार 789 चौमी जमीन संपादीत केल्या. हाचे पयकी 1 लाख 89 हजार 930 चौमी जमीन जीसीए क्रिकेट स्टेडियमा खातीर लीजाचेर दिल्या. लीजाचो कालावधी 33 वर्सांचो आसा. अशें जापेत म्हणला.

Jan 76

वाळपयच्या डॉ. हेडगेवार हायस्कुलांतलो विद्यार्थी श्रीजीत वैभव गाडगीळ हांची प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन जावपी परीक्षा पे चर्चा कार्यावळीच्या ९व्या सत्रांत गोंयचें प्रतिनिधित्व करपा खातीर खर प्रक्रिये उपरांत निवड जाल्या. परीक्षा पे चर्चा चर्चा ह्या प्रधानमंत्रीं नरेंद्र मोदी हांच्या कार्यावळीत विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालकांक परिक्षा, ताण वेवस्थापन आनी शिकपा संबंदी प्रस्नांचेर थेट संवाद सादपाक मेळटा. निवड प्रक्रियेचो एक भाग म्हूण ऑनलायन प्रस्न मंजुषा सर्त घडोवन हाडिल्ली.गोंयभरांतल्या शाळांतल्यान निमण्या पांवड्यार पावील्या दोन विद्यार्थ्यांतल्यान श्रीजीत गाडगीळाची निवड जाली..

लोकोत्सव-२०२६-160

गोंय सरकार, कला आनी संस्कृती संचालनालयान 20 जानेवारी ते 29 जानेवारी 2026 मेरेन लोकोत्सव घडोवन हाडला.ह्या वर्सुकी लोकोत्सव-2026 भारतभरांतल्या लोककला आनी हस्तकलेचो सोबीत मिश्रण सादर करतले अशी म्हायती कला संस्कृती मंत्री रमेश तवडकार हाणी दिली.

Sports 30

गोय क्रिकेट संघटनेनं आयोजित केल्ले १६ वारसा पिराये सकाययल्या आंतर शालेय दिलीप सरदेसाई बार्देस विभागातले क्रिकेट स्पर्धेत चबी चिकस आनी सेंट ब्रिटोस माध्यमिक स्कूलॅन जैत मेळयलें आणि फुडल्या फेरयेत प्रवेश मेळयलो

Weather

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३४.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 19.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.